Panaji Regional 19th March 2025 7.25am

गणेश - 90

राज्यांत मंत्रीमंडळ फेरबदलाचेर चर्चा चालू आसतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल नवी दिल्लींत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांची भेट घेवन वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली. फौजदारी कायदे, खण वेवसायांतल्या नव्या घडामोडींची म्हायती केंद्रीय गृहमंत्र्यांक दिल्या अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी दिली. तशेंच राज्याचें प्रशासन आनी उदरगती विशीं अमित शाह हांचें कडल्यान मार्गदर्शन घेतिल्ल्याची म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी दिल्या.सभापती रमेश तवडकार हांणी बेगीनूच मंत्रीमंडळांत फेरबदल जातलो असो संकेत दिल्या उपरांत मंत्रीमंडळ फेरबदलाचेर परतून चर्चा सुरू जाल्या. डॉ. सावंत 26 मार्चाक 2025- 2026 वर्सांचो अर्थसंकल्प सादर करतले. हे फांटभूंयेर तांचे दिल्ली भेटेक म्हत्व मेळ्ळां.

Tanavade - 170

राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हाणी वाढते स्पॅम कॉल्स, फिशिंगचे प्रयत्न आणि डेटा गोपनीयतेचे उल्लंघन जाका लागून लाखांनी भारतीयांचेर परिणाम जातात हे मुद्दे उपस्थित केले.

संसदेत उलोवप करताना, तानावडे हाणी अनपेक्षित स्पॅम कॉल्स, व्हॉट्सअॅप आनी सोशल मिडिया वरवीं फटीचे ऑडियो आनी व्हिडियो कॉल, ईमेल, एसएमएस, आनी बनावट वेबसायटी वरवीं फटोवपी संदेश येवपाचेर भर दिलो. हे घोटाळे नागरिकांच्या गोपनीयतेक, सुरक्षिततेक आणि आर्थिकदृष्ट्या गंभीर धोको निर्माण करतात. दर दिसा निरपराधी लोकांक बँको, सरकारी एजन्सी वा कायद्याची अंमलबजावणी करपी संस्था आशिल्ल्याचे भासवून फसवणूक करणाऱ्यांकडल्यान फोन येतात. बरेच जाण तांच्या जाळ्यात अडकतात आणि तांचे कष्टाचे पयशे वगडायतात अशें तानावडे हांणी सांगलें.

डिजिटल तंत्रगिन्यानाची माहिती नाशिल्ल्यांक, खास करून ज्येश्ठ नागरिकांक आनी ग्रामीण भागातल्या लोकांक अशा फटवणुकेक बळी पडपाचो चड धोको आसा हाजेर तांणी भर दिलो. तनावाडे हांणी वैयक्तीक डेटाचो गैरवापर हो एक मुखेल मुद्दो अशें नदरेक हाडलें.

गोंयांत अशे तरेचे घोटाळे वाडल्यात, जायत्या गोंयकारांनि हाका लागून आपली बचत वगडायल्या असोय उल्लेख खासदारानि केला.
ह्या वाडट्या धोक्याक तोंड दिवपा खातीर तांणी सरकाराक चड घटमूट कायदे हाडपाचे, डिजिटल सुरक्षा वाडोवपाक आनी खर देखरेख चालीक लावपाचे आवाहन केले.

Rashmi – 160
AI तंत्रज्ञान ही फुडाराची गरज आसा.सगळ्या क्षत्रात AI चो उपेग जातले हे सध्याचे स्पश्ट चीत्र,ताका लागुन AI मळार करीयर घडोवप्यांक तरणाट्यांक खुप संद आसा अशे मत म्हायती आनी तंत्रगीन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगले.ते पणजे आयोजित AI परीशदेत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. गोंयात AI कंपन्यानी तांचे start up सुरू करचे,गोयांत ह्या कंपन्यांक लागपी मनीसबळ आसा अशे मंत्री गोविंद गावडे हांणी म्हणला. गोंय सरकार प्रशासनात लेगीत AI चो उपेग करपाक महत्व दीता. Goa online ही सेवा whats app चेर उपलब्ध करून दीवच्या दीखेन काम सुरू आसा, अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या. तशेंच digital nomed visa प्रक्रीया सुरू करपाखातीर काम सुरू जाला,हे शिवाय गोंयची IT industyविशी फुडल्या म्हयन्यात वेगवेगळ्या राज्यांनी road show करतले अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या. गोयांत AI चो उपेग शेतकी तशेंच पर्यटन मळाक उर्बा दीवपाक जांक शकता अशे ह्यावेळार परीशदेचे मुखेल वक्तेआनी google cloud चे अधिकारी सिद्धार्थ प्रकाश हांणी सांगले.ह्या परीशदेक IT मळार शिक्षण घेवपी विद्यार्थी तशेंच IT वेवसायीक हाजीर आशील्ले.

---

पुराय देशासयत गोंयांत आतां आठवी अर्थीक जनगणना जातली.दरेकल्याची येणावळ,मालमत्ता हाची म्हायती एकठांय करुन अहवाल तयार जातलो.अर्थीक जनगणने खातीर जिल्हो तशेंच राज्य पावंड्या वयली समिती नियुक्त जाल्या.हे विशींचीय अधिसुचोवणी ज्यारी जाल्या.२०२५_२६ त पुराय देसांत आठवी अर्थीक जनगणना करपा विशींचें आदेश केंद्रीत नियोजन आनी सांखिकी मंत्रालयान ज्यारी केल्या.ते प्रमाण दरेका राज्याक अर्थीक जनगणनेचो वावर करचो पडटलो.मुखेल सचिवांच्या फुडारपणाखाला राज्य पावंड्या वयली समिती स्थापन जाल्या.नियोजन आनी सांखिकी खात्याचे आयुक्त आनी सचीव,पंचायत सचीव,नगरपालिका आयुक्त आनी सचीव,उद्देग सचीव,कामगार सचीव, राष्ट्रीय सर्वेचे उपसंचालक, उत्तर आनी दक्षीण गोंय

जिल्होधिकारी,msmeसंघठणेचो प्रतिनिधी,एन आय सी चो राज्य म्हायती अधिकारी हें समितीचे वांगडी आसात.नियोजन आनी सांखिकी खात्याचे संचालक हें वांगडी सचीव आसात.अर्थीक सर्वेक्षणाचो नियाळ घेवपासयत तंत्रीक आनी प्रशासकी आडखळी पयस करपाची जापसालकी समितीची आसा.

---

६३ व्या महाराष्ट्र राज्य हौशी मराठी नाट्य सर्तींत गोंयच्या रुद्रेश्वर संस्थेन सादर केल्ल्या मिडिया ह्या नाटकाक स लाख रुपयांचें पयलें इनाम फावो जालां अशी म्हायती सांस्कृतीक कार्य संचालक विभिषम चवरे हाणी उजवाडायिल्ल्या पत्रका वरवीं कळीत केलां.